Panaji National 2nd October 2025 8.40am

देश आज राष्ट्रपिता महात्मा गांधीक आनी आदले प्रधानमंत्री लालबहादुर शास्त्री हांकां तांच्या जयंती निमतान आर्गां ओपता.

आज देशभरात दसरो व्हड उमेदीन आनी उत्साहात मनयतात.

केंद्रीय मंत्रीमंडळाच्या अर्थीक वेव्हार समितीन देशभरांत 57 नवि केंद्रीय विद्यालया उगडपाक मान्यताय दिल्या.

भारत आनी वेस्ट इंडीज हांचे मदीं दोन टेस्ट मॅचींची माळ आयज सुरू जाता.

Gandhi Shastri – 80

राष्ट्रपिता महात्मा गांधी हांच्या जयंतीनिमतान आज पुराय देश तांका आर्गां ओपता. देशभरांत आनी परदेशांतल्या भारतीय मिशनांनी साबार कार्यावळीं जातात. राश्ट्रीय राजधानीत महात्मा गांधी हांची समाधीं राजघाटार सर्व धर्म प्रार्थना सभा घडोवन हाडल्या. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी हांणी राष्ट्रपिता महात्मा गांधीक तांच्या 156व्या जयंती निमतान आर्गां ओपल्या.

तशेंच आदले प्रधानमंत्री लालबहादुर शास्त्री हांच्या जयंती दिसा देश तांचे स्मरण करता. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज आदले प्रधानमंत्री लालबहादुर शास्त्री हांकां तांच्या 121व्या जयंती निमतान आर्गां ओपल्या.

Dasra – 50

विजयादशमी वा दसरो आयज व्हड उमेदीन आनी उत्साहात मनयतात. ह्या दिसा नवरात्रा आनी दुर्गापुजेचो समारोप जाता,आनी वायटाचेर बऱ्याचें जैताचे प्रतीक.

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आज दिल्लीत माधवदास पार्कांत दसरो उत्सवाक हाजीर रावतल्यो. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी पूर्व दिल्लीतल्या पटपड़गंजात रामलीला समितीन

सांजवेळा 6 वरांचेर आयोजीत केल्ल्या पारंपारीक रावण दहन कार्यावळींत  हाजीर रावतले.

Prez – Vijayadashmi – 30

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी देशवासियांक विजयादशमीच्यो परबी दिल्या. हो सण अधर्माचेर धर्माच्या विजयाचे प्रतीक आसून तो आमका सत्य आणि न्यायाच्या मार्गाचेर चलपाक प्रेरणा दिता अशे तांणी आपल्या संदेशात म्हळां.

RSS – 50

राष्ट्रीय स्वयंसेवक संघाच्या शताब्दी उत्सवा निमतान आज सकाळीं नागपूरांतल्या रेशमबागात एक व्हड कार्यावळ जातली. ह्या कार्यावळींत आदले राष्ट्रपती रामनाथ कोविंद हाजीर आसतले. सरसंघचालक डॉ. भागवत विजयादशमी निमतान मुखेल भाषण दितले. नागपूरांत जावपी ह्या कार्यावळीक देश-विदेशांतल्या मानेस्तक आपयल्यात. अंदूंच्या खाशेल्या कार्यावळींत सुमार 21 हजार स्वयंसेवक हाजीर रावपाचे आसात.

Cabinet - 80

केंद्रीय मंत्रीमंडळान केंद्र सरकाराच्या कर्मचाऱ्यांक म्हारगाय भत्तो (डीए) आनी निवृत्तीवेतनधारकांक म्हारगाय दिलासो (डीआर) तीन टक्क्यांनी वाडोवपाक मान्यताय दिल्या. नवी दिल्लींत काल जाल्ले मंत्रीमंडळ बसके उपरांत मिडियाक म्हायती दितना म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें, हाचो फायदो सुमार 49.2 लाख केंद्र सरकाराच्या कर्मचाऱ्यांक आनी 68.7 लाख पेन्शनरांक जातलो. अंदू 1 जुलय सावन हें लागू जातलें अशें तांणी सांगलें.

केंद्रीय मंत्रीमंडळाच्या अर्थीक वेव्हार समितीन देशभरांत 5,862 कोटी रुपया परस चड खर्च करून 57 नवि केंद्रीय विद्यालया उगडपाक मान्यताय दिल्या.

Byte

Amit Shah – 40

गृहमंत्री अमित शाह हांच्या अध्यक्षतेखालाच्या उंचेल्या पांवड्यावेले समितीन णव राज्यांनी 4,645 कोटी रुपया परस चड खर्चाच्या आपत्ती प्रतिरोधक प्रकल्पांक मान्यताय दिली. ह्या प्रकल्पांचो फायदो आसाम, केरळ, मध्य प्रदेश, ओडिशा, राजस्थान, उत्तर प्रदेश, बिहार, छत्तीसगड, आनी आंध्र प्रदेश अशा णव राज्यांक जातलो.

IMD – 40

भारतीय हवामान खात्यान आयज ओडिशाच्या काय सुवातींनी दाट उटनगराचो रेड अलर्ट जारी केला. तशेंच फुडल्या दोन ते तीन दिसांत अरुणाचल प्रदेश, बिहार, राजस्थान, झारखंड, नागालॅंड, मणिपूर, मिझोराम आनी त्रिपुरा, सौराष्ट्र आनी कच्छ हांगा घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.

ICC – 70

आयसीसी बायलांच्या वन डे क्रिकेट विश्वचषकाच्या दुसऱ्या मॅचींत ऑस्ट्रेलियेन न्यूझीलंडाक 89 धांवड्यांनी हारयलो.

आज बांगलादेश आनी पाकिस्तान हांचे मदीं खेळ जातलो. ही मॅच भारतीय वेळा प्रमाण दनपारां 3 वरांचेर कोलंबो शारांत जातली.

Cricket – 30

भारत आनी वेस्ट इंडीज हांचे मदीं दोन टेस्ट मॅचींची माळ आयज सुरू जाता. पयली मॅच अहमदाबादांत सकाळीं 9:30 वरांचेर जातली. हे माळेची दुसरी कसोटी मॅच 10 ऑक्टोबर सावन नवी दिल्लींत जातली.